# PANAJI NATIONAL
# NEWS 22 JAN 2026,6.30PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां केरलाक भेट दितले. हे भेटी वेळार श्री मोदी तिरुवनंतपुरमांतल्या वेगवेगळया उदरगत प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले, उक्तावण करतले आनी ध्वज दितले. तशेंच ह्या निमतान ते मेळाव्यांक संबोधन करतले. रेल्वे जोडणी, शारी उदरनिर्वाह, विज्ञान आनी नवनिर्माण, नागरिक केंद्रीत सेवा, आनी प्रगत भलायकी जतनाय ह्या सारक्या मुखेल क्षेत्रांनी हे प्रकल्प पातळळयात, जें प्रधानमंत्र्यान समावेशक वाड, तंत्रीक उदरगत आनी नागरिकां खातीर जिणेचो दर्जो सुदारपाचेर सतत लक्ष केंद्रीत केल्ल्याचें प्रतिबिंबीत करता.

संरक्षण दळां मदीं अंदूंच्या प्रजासत्ताक दिसाच्या परेडाचें फुडारपण भारतीय वायुसेना करतले अशें सुवाळया संचालनालयाचे हवाई कमोडोर इमरान जैदी हांणी आयज सांगलें. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना हवाई सेनापती जैनी हांणी आयएएफच्या श्रद्धांजली सुवाळयाचें फुडारपण स्क्वाड्रन फुडारी हेमंत सिंग कन्यार हांणी अंदूंच्या प्रजासत्ताक दिसा परेडांत करतले अशी म्हायती दिली.मार्चिंग टुकडींत 144 हवाई झुजाऱ्यां वांगडा चार अधिकारी आसतले अशें तांणी सांगलें. तशेंच 75 वांगड्यांची वायुसेनेची बँड सादरीकरणय जातलें, तातूंत 66 अग्निवीर आनी णव बायलो अग्निवीर पयलेच खेपे सादरीकरण करतले अशें तांणी सांगलें. ह्या म्हयन्याच्या 29 तारखेक जावपी मारपेट रिट्रीट सुवाळयांत वायुसेनाचे 121 संगीतकार वांटो घेतले अशें हवाई सेनापती जैनी हांणी फुडें सांगलें.

संरक्षण संशोधन आनी विकास संघटना, डीआरडीओ अंदूंच्या प्रजासत्ताक दिसाच्या परेडांत कार्तव्य मार्ग आनी भारत पर्वांत राश्ट्रीय सुरक्षा खातीर आपलीं नवकल्पना दाखयतली. संरक्षण मंत्रालयान ही यंत्रणा लांब रेंज अँटी-शिप हायपरसोनिक क्षेपणास्त्र (एलआर-एएसएचएम) आनी डीआरडीओ टेबलो- नेव्हल टेक्नॉलॉजीज फॉर कॉम्बॅट पाणबुडयो अशी म्हायती दिल्या.

जम्मू-काश्मीरांतल्या दोडा जिल्ह्यांत जाल्ल्या दुख्खद रस्त्याच्या अपघातांत भारतीय सैन्याच्या 10 सैनिकांक मरण आयिल्ल्यान संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान दुख्ख उक्तायलां. जखमी सैनिकांक वैजकी सेवा मेळटा आनी शक्य तितली बरी उपचार पद्दत सुनिश्चीत करपा खातीर गरजेच्यो सगळयो दिका दिल्या अशें श्री सिंग हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें. दुख्खी कुटुंबांक दुख्ख उक्तायतना मंत्री हांणी सांगलें, ह्या कठीण वेळार राष्ट्र सशस्त्र दळ आनी तांच्या कुटुंबां वांगडा उबें आसा.

कार्बन पत वेपार येवजणे खाला (सीसीटीएस) अतिरिक्त कार्बन-प्रधान क्षेत्रां खातीर हरितगृह वायू उत्सर्जन तीव्रता (जीईआय) लक्ष्य सरकारान अधिसुचोवणी दिल्या. आतां ह्या क्षेत्रांतल्या वट्ट 208 बंधनकारक संस्थांक उत्सर्जन तीव्रता उणी करपाचे थारायिल्ले लक्ष्य पुराय करचे पडटले अशें पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्रालयान सांगलां. ह्या विस्ताराक लागून भारतीय कार्बन बाजारपेठेची पालन यंत्रणा आतां भारतांतल्या चड उत्सर्जन-प्रधान उद्देगांतल्या 490 बंधनकारक संस्थांचो आस्पाव करता अशें तातूंत म्हणलां.

राष्ट्रपती भवनाच्या आवारांत आशिल्लें अमृत उद्यान फुडल्या म्हयन्याच्या 3 तारखे सावन 31 मार्च मेरेन लोकां खातीर उक्तें आसतलें.राष्ट्रपती सचिवालयान, एका निवेदनांत सांगलां की, बाग सकाळीं 10:00 ते सांजे 6:00 मेरेन उक्ती आसतली, निमाणी प्रवेश सांजवेळा 5:15 वरांचेर.देखरेखी खातीर सोमारा आनी 4 मार्चाक होळीच्या निमतान बाग बंद उरतली.अमृत उद्यानांत सगळया भोंवडेकारांक प्रवेश फुकट आसतलो अशी म्हायती आकाशवाणी संवाददात्यान दिल्या.

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत आयज वडोदरा हांगाच्या बीसीए स्टेडियम कोटांबी हांगा युपी वॉरियर्स बायलां आनी गुजरात जायंट बायलां आड लीग मॅचींत खेळटले.सांजवेळा 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा. डब्ल्यूपीएल २०२६ दोन शारांच्या स्वरूपांत जाता. सर्तीचो नवी मुंबय लेग पुराय केल्या उपरांत पांचूय पंगड सर्तीच्या दुसऱ्या अर्दा खातीर गुजरातांत स्थलांतरीत जाल्यात.

भारत हवामान खात्यान फाल्यां जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टीस्तान, आनी मुजफ्फराबाद हांचेर कांय सुवातेर व्हड प्रमाणांत पावस आनी गडगडपाचो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, पंजाब आनी राजस्थानाचेर वीज आनी वादळां वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडले दोन दीस गुजरात, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगाय अशीच परिस्थिती उरतली अशें आयएमडीन सांगलें.